Panaji

Regional News

18 July 2025,7.20pm

Career मुखेलमंत्री

गोंयात करीयराच्यो खुप संद्यो आसात, तशेंच नामांकित अश्यो शैक्षणिक संस्था गोंयांत आसात,  ताका लागुन आपणे खंयचे शिक्षण घेतल्यार खंयचो करीयर करु येता ताचो सोद गोंयचो फुडार घडोवपी विद्याथ्यांनी घेवपाची गरज आसा अशे मुखेलमंत्री तशेंच शिक्षण मंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. आपल्याक खंयच्या मळार करीयर करपाक जाय, ते थारोवपाची योग्य वेळ म्हणल्यार विद्यार्थी आसतनाची. तुम्ही एकदा ते थारायले कांय तुम्ही फुडारात खंयचे शिक्षण घेवचे, करीयराप्रती खंयचे मार्गदर्शन जाय ह्यो बाबी स्पश्ट जाता,आनी करीयर घडोवापक ह्यो बाबी महत्वाच्यो आसता. नेमकी हीच बाब लक्षात घेवन सरकारान आयज करीयर गायडन्सांची कार्यावळ आयोजित केला अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. मुखेलमंत्री गोंय scert  वतीन आयज यत्ता 9 वी ते यत्ता 12 वीच्या विद्याथ्यांखातीर  करीयर गायडन्स करपी Goa Career Navigator – 2025 ह्या कार्यावळीचे उत्तावण केले उपरांत मुखेल सोयरे म्हण उलयताले. ही कार्यावळ पणजे कला अकादमीच्या मास्टर दिनानाथ मंगेशकर सभाघरात आयोजित केल्ली. शिक्षकांनी लेगीत विद्याथ्यांक  करीयर गायडन्स करचे, ताचे खातीर शिक्षकांनी गोंयात आशिल्लया शैक्षणिक संस्थाचे काम समजुन घेवन विद्यात्यांकं ताचो लाव कसो जाव येता ते सागंचे अशे आवाहन ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केला. केले,करीयर, करीयराक लागपी शिक्षण, हे शिक्षण खंय उपलब्ध आसा, खयच्या करीयरात कितलो पगार आसा, शिक्षणाचो अवधी, जागतिक तशेच राश्ट्रीय पावंड्याचेंर ह्या करीयराचे महत्व, तांतुल्लो फुडार हे विंशी विद्यात्यांक  प्रेझेंन्टेशनावरवी म्हायती दिली.  जाल्यार विद्यात्यांनी ह्यावेळोर तांका आशिल्लयो प्रस्न विचारुच तांका आशिल् प्रस्न  सुटावे केले.  कला अकादमीच्या मास्टर दिनानाथ मंगेशकर सभाघरात जाल्या ह्या कार्यावळीक  scertची संचालिका मेघना शेटगांवकार, शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे, गोंय उच्च शालांन्त मंडळाचे संचालक  भुशण सावयकार, शाळाचे शिक्षक तशेंच  हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

## एल.एल.सी कडे कबलात

सरकारी कामकाजात ए.आय चो उपेग करुन, वेगान आनी सर्वसमावेशक भौशीक सेवा मुखार व्हरपा खातीर गोंय सरकार आनी गूगल एल.एल.सी हांचे मदीं बेरेस्तारा कबलात जाल्या. ए.आय यंत्रणेवरवी सेवा ऑटोमेशन, प्रत्यक्ष वेगवेगळ्या कामकाजाचेर पाळत आनी नियंत्रण दवरप, आपत्कालीन प्रतिसाद, हयो सेवा दिवपाक ह्या यंत्रणेवरवी सोपे जातले म्हण सराकरान ही कबलात केल्या अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी गुगल एल.एल.सी कडे कबलात केल्या उपरातं दिल्या. सरकारी कर्मचाऱ्याकं आर्टीफीशल इन्टेलिजंन्सांचो उपेग कशा पद्तीन करुन सुटसुटीत प्रसासकीय सेवा दिवपाक येंवक शकता हे विंशी गूगलचे कर्मचारी सरकार कर्मचाऱ्यांक प्रशिक्षण दितले. तंत्रगिन्यानाच्या जोडपालवान, तशेचं तरणाट्यापिटीक ह्या यंत्रणेच्या आदारान घडोवन बरे उदरगत जाल्ले विकसित गोंय करपाची मोख राज्य सराकारन दवरला अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

## गोंय विद्यापिठाक NAAC

गोंय विद्यापिठाक NAAC ची ‘A ‘ GRADE फावो जाला. हे मानांकन 2030 मेरेन हे लागु आसतले. National Assessment and Accreditation Council (NAAC)हालीच केल्या पळोवणए उपरांत आता नाकावतीन विद्यापिठाक अ श्रेणी दिल्या. ह्यानपयली २०१४-२०१९ मेरेन विद्यापिठाक नाकान अ विद्यापिठाची श्रेणी दिल्ली. मात उपरांतच्य काळात विद्यापिठाचो शैक्षणिक दर्जो पलोवन नाकान विद्यापिठाक B – PLUS PLUS हो दर्जो दिल्लो.विद्यापिठाचो शैक्षणिक दर्जो आता परत सुधरिल्यान नाकान विद्यापिठाक अ श्रेणी दिल्या.(2001-2005) वर्सा गोंयविद्यापिठाक नाकाकडल्यान कडल्यान 4 नखेत्रांचें रेटिंग दिलें, ताचे उपरांत 2009-14 वर्सा खातीर ‘बी’ ग्रेड आनी 2014 वर्सा ‘ए’ ग्रेड दिल्लो. उपरांत आता विद्यापिठाक परत ए’ ग्रेड फावो जाला.

अभ्यासक्रम शिकोवप, विद्यार्थ्यांचे शिकप आनी शिक्षणाचे मुल्यांकन पध्दत, विद्यापिठात जावपी संशोधन, नवनिर्माण विस्तार कार्यावळी, मुळावी बांदावळ आनी शिकपाची साधनां हांच्या आदाराचेर; विद्यार्थ्यांची प्रगती, प्रशासन आनी वेवस्थापAAन, हे निकश लक्षात घेवन विद्यापिठाक संबंधित मुल्यांकन नाक दिता.

जाल्यार आनीक एका खबरीन गोंय विद्यापिठाच्या शीरपेचात मानाचो तुरो जोडला. गोंय विद्यापिठाक Geo Spatial Technologies वरवी उत्कृश्ट विद्यापीठ म्हण पुरस्कार फावो जाला. जाल्यार गोंय विद्यापिठाचे प्राचार्य रामराव वाघ हांका National Geospatial Emerging Fellow Award हो पुरस्कार फावो जाला. बेरेस्तारा मुंबय हांगा हो पुरस्कार प्रदान करपाचो

राज्यपाल सोपूत

आदले केंद्रीय मंत्री पुसापती अशोक गजपती राजू हे २६ जुलयाक राज्यपाल म्हणून रुजू जातले. राजभवनाचेर २६ जुलयाक सकाळीं ११ वरांचेर ते सोपूत विधी घेतले. मुंबय उच्च न्यायालयाचे मुखेल न्यायमुर्ती अलोक आराधे हे तांकां राज्यपालपदाचो सोपूत दितले.राज्यपाल पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांचे सुवातेर गजपती राजू हांची राज्यपालपदा नेमणूक करपाचो आदेश राष्ट्रपतींनी १४ जुलयाक जारी केल्लो. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे सयत हेर मंत्री आनी विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी राजू हांचे नियुक्तीक येवकार दिल्लो. आंध्र प्रदेश विधानसभेंत २५ वर्सां परस चड काळ आमदार असलेले पुसापती अशोक गजपती राजू हे २०१४ ते २०१८ मेरेन केंद्रीय मंत्री आशिल्ले. तेलगू देसम तशेंच भारतीय जनता पक्षा खातीर तांणी जायतीं वर्सां काम केलां.

राष्ट्रीय सांख्यिकी

राष्ट्रीय सांख्यिकी कार्यालयान पोरवोरीमच्या कौटिल्य लेख भवनांत कॉलेजी आनी विद्यापिठाच्या विद्यार्थ्यां खातीर क्विझ सर्त आंवेशा 2.0 आयोजीत करून राष्ट्रीय नमुनो सर्वेक्षणाची 75 वर्सां पुराय जालीं. भारताच्या डेटा चालीत शासनाची फाटीची कणो म्हणून वळखतात त्या एनएसएसान भलायकी, रोजगार, शिक्षण, उद्देग ह्या सारक्या क्षेत्रांतल्यान घटमूट डेटा एकठांय करून समाजीक-आर्थीक नियोजनांत मुखेल भुमिका साकारल्या.

ह्या काऱ्यक्रमांत ३७ पंगडांनी आनी १५० वयर हाजीरांनी वांटो घेतलो. देविका भदरी आनी रुक्मा सिंगबल हांचो आस्पाव आशिल्ल्या गोंय विद्यापिठाच्या पंगडान पयलो, जाल्यार कार्मेल कॉलेजीच्या विद्यार्थ्यांनी दुसरें आनी तिसरें स्थान मेळयलें. एनएसओ आनी नियोजन,

सांख्यिकी आनी मूल्यांकन संचालनालयाच्या अधिकाऱ्यांनी भौशीक धोरण आनी उदरगतींत डेटाचें म्हत्व रेखांकित करून ह्या मेळाव्याक संबोधन केलें.

## कोयर प्रक्रिया प्रकल्प उबारतले

मडगाव: मडगावात दर दिसा तयार जावपी कोयराचो विलो लावपाखातीर सोनसडाे वाठारात १५ टन कोयराचेर प्रक्रिया करपी बायोमिथेनेशन प्रकल्प उबारपाच्या निर्णयाक आयज मडगाव पालिकेच्या बसकेत मान्यताय दिली.

मडगावचे नगराध्यक्ष दामोदर शिरोडकार हांचे यजमानकेखाला ही बसका जाली.हेच बसकेत मडगावच्या पोरण्या बस स्थानकाचे सूडा यंत्रणेवतीन साेबितीकरण करपाचो म्हत्वाचो थाराव संमत केलो.

हे बसकेविशीं म्हायती दितना नगराध्यक्ष शिरोडकार हांणी मडगावात हायड्रोलिक पार्किंग प्रक़ल्प उबारपाच्या निर्णयाकय या बसकेन मान्यताय दिली अशें सांगलें. फाटल्या बसकेन जी करवाढ सुचयल्ली त्या करवाढीकय आयचे बसकेत नगरसेवकांनी मान्यताय दिली अशें तांणी सांगलें.

## संजना पब्लिकेशन्स

संजना पब्लिकेशन्स च्या वतीन साखळचे नामनेचे लेखक श्री प्रदीप लवंदे यांच्या उतरांलय या ललित  संग्रहाचो लोकार्पण सुवाळो फाल्यां शेनवार तारीख 19 जुलै 2025 दिसा जातलो. साखळेच्या डेल्मन सभागृहात सांजवेळा पाच वरांरांचेर जावपी या पुस्तक प्रकाशनाक मुखेल सोयरें म्हणून  राज्याचे मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हजर आसतले. खाशेले सोयरे म्हूण ज्येष्ठ साहित्यिक आनि संशोधक डॉक्टर राजय पवार आणि साखळची नगराध्यक्ष सिद्धी प्रभू तशेच प्रकाशक दिनेश मणेरकर आणि लेखक प्रदीप लवंदे  हजर आसतले . साहित्य मोगीनी वडासंख्येन या पुस्तक प्रकाशन सोहळयाक हजर रावचे अशे आवाहन संजना पब्लिकेशन्स हाणीं केला.